# नाविकांक कळोवणी

## आग्वाद सॅण्ड बार येरादारी खातीर उकतो

ता. 17 सप्टेंबर 2024

कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान आग्वाद उदका येरादारी मार्ग ता. 16 सप्टेंबर 2024 सावन फुडल्या आदेशा मेरेन सगळ्यां तरेच्या तारवांखातीर उकतो केल्ल्याचे जाहीर केला. तशेंच कांपाल, तेजो फ्रंट, तेजो रिअर, रेईश मांगूश, पेन्ह-द-फ्रांस आनी आग्वादचे दीपगृह चालू केला.

तशेंच कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्याच्या पुर्व परवानगी बगर कुंभारजुवा कॅनलातल्यान बाणस्तारी पुला सकयल्यान येरादारी करपाक पुराय बंदी घातल्या.

तशेंच नाविकांनी मांडवी आनी जुवारी पुलांखालच्यान येरादारी करतना अदीक खबरदारी घेवची आनी हेर सुचोवण्यांक पाळो दिवचो. पुलासावन दोनीय वटेन 500 मीटर वाठारात ओव्हरटेक करपाक मनाय आसा.

तशेंच धावजी हांगा नव्या कोंकण रेल्वे पुला सकयल्यान येरादारी करतना तारवांनी खबरदारी घेवपाची गरज आसा. तशेंच नाविकांनी फकत भरतीच्या वेळार आग्वाद सॅण्ड बार पट्ट्यातल्यान खबरदारी घेवन येरादारी करची, अशें कॅप्टन ऑफ पोर्टस खात्यान कळीत केला.

म्हा /सप/ / विगां/ 2024/490

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.